प्रादेशिक खबरो  07.07.2025 @ 7.20 pm

मुखेल  खबरो ---

एनएफएसयू, गोवा कॅम्पस वतीन डिजिटल न्यायशास्त्राचेर 5 दिसांची प्रशिक्षण कार्यावळ आयोजित केल्या

पॉलिटेक्नीक पदविका अभ्यासक्रमाच्या प्रवेशाची दुसरी फेरी 8 ते 10 जुलय ह्या काळांत जातली.

गोवा एथलेटीक संघटनेन आयोजित केल्या ५६व्या राज्य एथलेटीक स्पर्धेचे आयोजन ७ ते ९ ऑगस्ट या कालावधीत  केला

राज्यात फुडले सात  दिस काय वाठरांनी व्हडा  प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

प्रसाद 190

नॅशनल फॉरेन्सिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटी (एनएफएसयू), गोवा कॅम्पस 7 जुलय ते 11 जुलय 2025 मेरेन आयकर विभागाच्या तपास संचालनालय, येणावळ कर खात्या खातीर डिजिटल न्यायशास्त्राचेर 5 दिसांची  प्रशिक्षण कार्यावळ आयोजित केल्या ह्या प्रशिक्षण कार्यावलीचे उक्तवन कॅम्पस संचालक, एनएफएसयू गोंय प्रा.डॉ नवीन कुमार चौधरी आनी आयकर (तपास) मुखेल संचालक  राहुल गर्ग हानी केले.ह्या  ऑफलायन प्रशिक्षणाचे हेतू तपास अधिकाऱ्यांक डिजिटल न्यायालयीन विज्ञानांत - अर्थीक गुन्यांवांचे चडांत चड म्हत्वाचे घटक - नवीनतम साधनां आनी तंत्रज्ञान सज्ज करपाचो अंमलबजावणी करप जावन आसा. ह्या कार्यावळीचें उक्तावण सुवल्यक विर्तुअल पद्दतिन केंद्रीय प्रत्यक्ष कर मंडळाचे  अध्यक्ष रवी अग्रवाल , आयकर (तपास) महासंचालक डॉ.नरेंद्र कुमार हानी केले. प्रशिक्षणत डिजिटल पुरावो हाताळणी, ब्लॉकचेन आनी क्रिप्टोकरंसी ट्रॅकिंग, मोबायल आनी संगणक न्यायालयीन, विश्लेशण, डार्क वेब तपास आनी अर्थीक फटवणूक सोदून काडपाक एआयचो वापर अशे प्रगत मॉड्यूल आसपावीत आसतले. ह्या प्रशिक्षणांतल्यान अधिकाऱ्यांक खऱ्या संवसारांतल्या

परिस्थितीं कडेन संवाद सादपाक, तांची चवकशी गुप्तचर बुद्धी वाडोवपाक आनी अर्थीक गुप्तचर आनी कर अंमलबजावणीच्या मळार न्यायालयीन उत्तम पद्दती लागू करपाक एक घटमूट माची  मेळटली अशें  आपल्या उकतवण उलोवपात डॉ.  नवीन कुमार चौधरी हानी सांगले. आयकर (तपास) मुखेल संचालक  राहुल गर्ग हानी प्रशिक्षण कार्यावळीची महिती दीली आणि प्रशिक्षणार्थी अधिकारी हानी ह्यो नवीन तांत्रिक पद्धती शिकुन आपल्या कामात ताचो वापर करचो अशें आवाहन केले.

DIP 110

गोंय खेळां प्राधिकरणान मान्यताय दिल्ल्या 2024-2025 वर्सा खातीर दिलीप सरदेसाय खेळां उत्कृश्टताय पुरस्कार दिवपा खातीर खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान त्या त्या राज्य पांवड्यावेल्या खेळां संघटनां वरवीं पात्र खेळगड्यां कडल्यान अर्ज मागयल्यात. ह्या पुरस्कारांत पदक, प्रशस्तीपत्र आनी 2.00 लाख रुपया रोख इनाम आसता. आनी फकत ऑलिंपिक, संवसारीक सर्त, आशियाई खेळ, राष्ट्रकुल खेळ आनी हेर आंतरराष्ट्रीय मान्यताय मेळिल्ल्या सर्तींनी वरिश्ठ वर्गांत फाटल्या वर्सा (म्हळयार 1 एप्रिल 2024 ते 31 मार्च 2025 ह्या काळात  भारताचें प्रतिनिधित्व केल्ल्या गोंयच्या खेळाडूंपैकी सर्वाधिक कामगिरी केल्या खेळगड्याक दितले. हो खेळगडो उण्यांत उणो 15 वर्सां गोंयांत राबीतो आशिल्लो जाय. पणजेच्या खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयाच्या खेळां खात्यांतल्यान कामाच्या दिसांनी सकाळीं 10.00 ते सांजे 5.00 मेरेन अर्ज मेळतले. आनी ते 31 जुलय 2025 पयलीं दिवचे

सुभाष 90

केंद्रीय कुशळताय मंत्रालयाच्या पालवान कुर्टी - फोंडा हांगा चालीक लायिल्ल्या संगणकिय अकावटींग अभ्यासक्रमाच्या लावार्थ्याक आयज प्रमाणपत्रां भेटोवपाचो सुवाळो जालो. जन शिक्षण संस्थान पर्वरी आनी श्री अमेय उच्च माध्यमिक विद्यालय हांणी जोड पालवान हो अभ्यासक्रम घडोवन हाडिल्लो. जन शिक्षण संस्थेचे संचालक श्रीहरी आठल्ये ह्या कार्यावळीक

मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले. कुशळताय शिक्षणा खातीर जन शिक्षण संस्थेन खुपशे कार्यावळी राबयल्यात आनी गोंयभरातल्या हजारांनी विद्यार्थी ताचो लाव घेतात अशें तांणी सांगलें. हे अभ्यासक्रम शिकपाक खाजगी आस्थापना खूप पयशे घेतात पूण तेच अभ्यासक्रम हांगा फुकट शिकयतात अशे तांणी सांगले. कुर्टी - फोणेंच्या ४० लावार्थी विद्यार्थ्यांक ही प्रमाणपत्रां भेटयली.

DIP 60

संस्कृती मंत्रालयाच्या खाला आशिल्ल्या राष्ट्रीय संगीत, नृत्य आनी नाटक अकादेमीन संगीत नाटक अकादमीच्या प्रतिश्ठीत पुरस्कार 2024 आनी 2025 खातीर आनी उस्ताद बिस्मिल्ला खान युवा पुरस्कारा खातीर अर्ज मागल्यात. अर्ज ऑनलायन आमंत्रण दितात, नामांकन आनी स्वताचें नामांकन, www.sangeetnatk.gov.in/award-honours/nomonation ह्या संकेतथळार अर्ज 14 जुलय मेरेन करू येता .गीत नाटक अकादेमीच्या सर्वसादारण परिशदेच्या सुचोवण्यां प्रमाण पारदर्शकता हाडपा खातीर नामांकनां मागोवपा खातीर सुरू केलां.

गणेश 75

पॉलिटेक्नीक पदविका अभ्यासक्रमाच्यो सुमार 193 सुवातो रित्यो आसात. ह्यो रितो सुवातो भरपा खातीर प्रवेशाची दुसरी फेरी 8 ते 10 जुलय ह्या काळांत जातली. फाल्यां मंगळार सावन दुसऱ्या प्रवेश फेरयेक सुरवात जातली.सरकारी तंत्रनिकेतन, आल्तिनो, सरकारी तंत्रनिकेतन मयें, कुडचडें, शिपबिल्डींग इन्स्टिट्यूट, बोगदा, आग्नेल आश्रमांत सीवील, मेकॅनिकल, इलेक्ट्रीकल, इलेक्ट्रॉनिक, फॅब्रीकेशन टेक्नोलॉजी अश्यो विवीध पदविका अभ्यासक्रम उपलब्ध आसात. इलेक्ट्रीकल, सीव्हील, इलेक्ट्रॉनीक ह्या विशयांतल्या अभ्यासक्रमांक बरीच मागणी आसा. ह्या अभ्यासक्रमा खातीरूय सुवात उपलब्ध आसा, अशी म्हायती तांत्रीक शिक्षण संचालनालयाचे उपसंचालक प्रदीप कुस्नूर हांणी दिली.

गणेश 120

होंडा जनरेटरांतल्यान रिव्हर्स वीजप्रवाह आयिल्ल्यान शटडावन आसतनाय काम करतना लायनमनाक शॉक आयलो. लायनमनाच्या मरणाचें हें एक कारण आसा. हाका लागून जतनायेचे उपाय म्हणून खात्यान जनरेटर, इन्वर्टरा खातीर नोंदणी आनी सुरक्षेचे उपाय सक्तीचे केल्यात. वीजमंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी ही म्हायती दिली. मेच्या निमाणे कडेन होंडा विजेचें दुरूस्ती काम करतना लायनमन चंद्रू गांवकार हाका शॉक लागून मरण आयिल्लें. शॉक लागपाच्या कारणांचो सोद घेवपा खातीर खात्यान अभियंत्यां वरवीं चवकशी करून अहवाल तयार केला. शॉक लागपाचीं जीं जायतीं कारणां आसात, तातूंत रिव्हर्स करंट हे एक कारण आसा. ह्या अहवालांत लायनमनाचे सुरक्षे खातीर वेगवेगल्यो उपाय योजना सुचयल्यात. जनरेटर तशेंच इन्वर्टरची नोंदणी करपाक सुरक्षेचे उपाय सुचयल्यात. जनरेटर तशेंच इन्वर्टरांक स्वतंत्र स्वीच बसोवपाची शिफारस केल्या. हे शिफारशी उपरांत जनरेटर, इर्न्वटरांक नोंदणी तशेंच सुरक्षेचे उपाय सक्तीचे केल्ल्याची म्हायती वीजमंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी दिली.

Rajnath singh  100

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी म्हणला की, हालीच्या ऑपरेशन सिंदूर वेळार भारताच्या देशांतर्गत उपकरणांच्या क्षमतेन त्यांच्या संरक्षण स्वदेशी उत्पादनांची जागतिक मागणी वाडल्या आज नवी दिल्लीत जाल्या नियंत्रक परिषदेत उलयताना सिंह हाणी सांगले

आजच्या युगात जय पुनर शस्त्रीकरण आणि संबंधित गुंतवणूक वेगान वाडटा त्या काळात संरक्षण अर्थशास्त्राचेर मंत्र्यांनी भर दिलो. एक लाख कोटी रुपयांच्या निधीसयत आरडीआय.योजनेचे उद्दिष्ट उच्च दर्जाच्या प्रकल्पांक प्रोत्साहन दिवप आणि महत्त्वपूर्ण तंत्रज्ञान साध्य करप आसा, अशे ते उलयले

Chauhan  70

केंद्रीय कृषी आणि शेतकरी कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान यांनी देशात मक्याच्या लागवडीक चालना दिवपाक बहु-भागीदार दृष्टिकोनाचे आवाहन केले. हे उद्दिष्ट पूराय करपाक राज्य आणि केंद्र सरकारचे शास्त्रज्ञ, शेतकरी, कृषी विद्यापीठां आणि उद्योग यांनी एकठाय

काम करचे हाचेर त्यांनी भर दिलो. आज नवी दिल्लीत फिक्कीच्या ११ व्या भारत मका शिखर परिषदेत उलयतान एक राष्ट्र, एक शेती आणि एक शेती, एक संघ या कल्पनेवरवी केंद्रित आशिली एक टीम फिक्कीन करपाचे आवाहन केले .

स्पोर्ट्स 110

कुडचड्यात दी पॉवरलिफ्टर्स आयोजित दुसरी अखिल गोवा पावड्यावेली डेडलिफ्टिंग अजिंक्यपद स्पर्धेचे आयोजन १३ जुलै क केला. गोवा सुपर बॉडीज पॉवरलिफ्टिंग असोसिएशनच्या जोड पालवान आयोजित ही स्पर्धा सब-ज्युनियर, ज्युनियर, सीनियर आणि मास्टर्स अशा विभागात घेतले.

गोवा ॲथलेटीक संघटनेन आयोजित केल्या ५६व्या राज्य ॲथलेटीक स्पर्धेचे आयोजन ७ ते ९ ऑगस्ट या कालावधीत बांबोळी ॲथलेटीक स्टेडियमर केला स्पर्धेचे आयोजन भारतीय ॲथलेटीक महासंघ आणि गोवा खेळा प्राधिकरणाच्या सहकार्यान जाता

गोवा बास्केटबॉल संघटनेन गोवा खेळा प्राधिकरणाच्या सहकार्यान नावेलीत मनोहर पर्रीकर इनडोअर स्टेडियमत आयोजित राज्य ज्युनियर बास्केटबॉल स्पर्धा २८ ते ३१ जुलै या कालावधीत दवरल्या या स्पर्धेतल्या कामगिरीवेल्यान पंजाब लुधियानात जावपी ७५व्या राष्ट्रीय ज्युनियर बास्केटबॉल अजिंक्यपद स्पर्धेत भाग घेवपी गोयचे ज्युनियर चले आणि चलयांचे पगड वेचतले.

IMD 55

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 29. 5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 40 ते 50किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 60 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला